30.03.2025

राष्ट्रीय खबरो @ 6.30 pm

मन की बात

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आकाशवाणीवेल्या मन की बात कार्यावळींत देश विदेशातल्या लोकाकडे संवाद साधलो. कापड कोयराच्या आव्हानाचेर भर दितना तो पुराय संवसाराक चिंतेचें मुखेल कारण जालां अशें ताणी सांगलें. फकत एक टक्क्यां परस उणो कापड कोयर रिसायकल करून नव्या कपड्यांत तयार जाता ह्या निष्कर्षाबद्दल ताणी चिंता व्यक्त केली. ह्या आव्हानाक तोंड दिवपा खातीर भारतांत जायते तोखणायेचे यत्न सुरू आसात अशें तांणी नदरेक हाडलें

पोरने कपडे आनी पांयतणां रिसायकल करून गरजवंतांक वांटप, कापडाच्या कोयरांतल्यान सजावटीचे कुडके, हँडबॅग, स्टेशनरी, खेळणीं अशीं जायतीं वस्तू तयार करतात अशें तांणी सांगलें. ‘सर्कुलर फॅशन ब्रँड’ लोकप्रिय करपाक वांटो घेवपी संघटनांचे मोदी हाणी तोखणाय केली.

उदका संवर्धनाचेर उलयतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी म्हणलें की उबाळो लागीं पावतकच जायत्या शारांनी आनी गांवांनी उदक वाचोवपाची तयारी सुरू जाता. उदक सांठोवप आनी उदक संवर्धन संबंदीत कामांत नवी गती मेळपाक लागल्या हाचेर तांणी समाधान उक्तायलें. देशांत हजारांनी कृत्रीम तळीं, चेक धरण, बोरवेल रिचार्ज आनी कम्युनिटी सोक पिट बांदपाचें काम सुरू आसा अशें तांणी सांगले. दर वर्सा प्रमाण अंदूय 'कॅच द रेन' मोहिमेची झुजा पांवड्यार तयारी, जलसंचय-जनभागीदारी अभियान चड लोकांक उदक संवर्धनाक जोडपा खातीर चालीक लायतात अशेंय तांणी सांगलें.

हे आवृत्तींत प्रधानमंत्र्यान विद्यार्थ्यांक गिमाळी सुटयेंत छंद सांबाळपाक आनी रचनात्मक कामां करपाक सल्लो दिलो. आयज भुरग्यां खातीर शिकपाक मेळपी माचयेचो उणाव ना. भुरग्यांक अशा कार्यावळींनी वांटो घेवपाचो उलो तांणी मारला.

एम्स

गरीबांतल्या गरीबांक बरी वैजकी उपचार मेळची हे खातीर सरकाराचें मुखेल प्राधान्य आसा. आयुष्मान भारत येवजणे खाला कोटी लोक फुकट वैजकी उपचार घेतात अशें तांणी सांगलें. महाराष्ट्रांतल्या नागपूर शारांत माधव नेत्रालय प्रीमियम सेंटराची बुन्याद घाल्या उपरांत प्रधानमंत्री उलयताले. तशेंच गरीब आनी मध्यमवर्गीय नागरिकांक परवडपी वखदां मेळटात अशा जन औषधी केंद्रांचें म्हत्व तांणी उक्तायलें. राष्ट्रीय स्वयंसेवक संघाचे स्वयंसेवक देशांतल्या वेगवेगळ्या क्षेत्रांनी आनी वाठारांनी निस्वार्थपणान वावुरतात अशें मोदी हांणी सांगलें. आपत्ती वेवस्थापनाच्या वेळार तांणी केल्ल्या शिस्तबद्ध यत्नांचेर ताणी भर दिलो भारतांत राश्ट्रीय भावना प्रेरीत करपा खातीर संघाचे संस्थापक डॉ. केशव हेडगेवार आणि माधवराव गोळवलकर हांच्या योगदानाचेर ताणी उजवाड घालो. हे वेळार संघाचे मुखेली मोहन भागवत, केंद्रीय मंत्री नितीन गडकरी आनी मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस कार्यावळीक हाजीर आशिल्ले.

पाडवा

गुडी पाडव्याची राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उप राष्ट्रपती जगदीप धनखर आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी लोकांक परबीं दिल्या. वसंत ऋतूक येवकार दिवपा खातीर आनी नव्या वर्साची सुरवात करपा खातीर मनयतात ते उत्सव भारताच्या गिरेस्त सांस्कृतीक विविधतायेंतल्या एकचाराचें प्रतीक आसात अशें राष्ट्रपती मुर्मू हाणी सोशल मिडिया म्हळा. प्रधानमंत्री मोदी हांणी ह्या निमतान सगल्या नागरिकांची भलायकी आनी समृध्दी खातीर प्रार्थना केली.

## वेदर

फाल्यां सावन 2 एप्रील मेरेन वायव्य भारतांत चडांत चड तापमान 4 ते 6 अंश सेल्सियस वाडपाची शक्यताय आसा असो अदमास भारतीय  हवामान खात्यान उक्तायला.फुडल्या पांच दिसांत उदेंत आनी द्वीपकल्पीय भारताचेर चडांत चड तापमानांत व्हडलोसो बदल जावचो ना. फाल्यां गंगेटिक अस्तंत बंगाल आनी ओडिशाच्या भितरल्या वाठारांनी उश्णतायेची  ल्हारांची  परिस्थिती जावपाची शक्यताय आसा असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. सोमारा मेरेन आसाम आनी त्रिपुराच्या कांय वाठारांनी उश्ण आनी दमट हवामान चालूच उरपाची शक्यताय आसा. मजगतीं, मध्य प्रदेश, महाराष्ट्र आनी उत्तर कर्नाटकांत 1 आनी 2 एप्रीलाक गारांचे  वादळ जावपाची शक्यताय आसा.

## स्पोर्ट्स

टेबल टेनिसांत आयज चेन्नयांत जाल्ल्या दादल्यांच्या उपांत्य फेरयेंत फ्रेंच खेळगडो थिबाल्ट पोरेट हाचे आड खेळताना भारताचो अव्वल मानांकित मानव ठक्कर हरील्यान सर्तींतल्यान भायर पडलो. आयज दादल्यांच्या फायनलींत थिबाल्ट पोरेट दक्षिण कोरियाच्या ओह जुन-सुंग आड  खेळटलो.काल चेन्नयांत दक्षिण कोरियाच्या लिम जोंग-हूनाचेर जैत मेळोवन उपांत्य फेरयेंत पावपी मानव पयलो भारतीय थरीलो. बायलांचो  एकोडी खेल  जपानांत जातलो

## नेस्ट

नॅशनल एज्युकेशन सोसायटी फॉर ट्रायबल स्टुडंट्स (नेस्ट) मंगळारा, दिल्लींतल्या आकाशवाणी भवनांत, सातवो स्थापणूक दीस मनयतली.  आदिवासी वेव्हार मंत्री जुआल ओराम ह्या कार्यावळींत मुखेल सोयरे आसतले, जाल्यार आदिवासी वेव्हार राज्यमंत्री दुर्गादास उइके भोवमानीत सोयरे म्हूण कार्यावळीत हाजीर रावतले.  ह्या संदर्भात एकलव्य मॉडेल रेसिडेन्शियल शाळांच्या (ईएमआरएस) बारा विद्यार्थ्यांक, सकाळच्या सत्रांत भोवमानित करतले, जाल्यार खेळां

मेळाव्यांत, उत्कृश्ट कामगिरी करपी कर्मचाऱ्यांक सांजवेळाच्या कार्यावळींत, पुरस्कार भेटयतले.